**Panaji National Bulletin News 1st October 2023-8.40 Am**

मुखेल खबरो

**PM DRIVE 50**

आयज सकाळी 10 वरांचेर लोकांनी एकठांय येवन नितळसाणे खातीर एक वर समर्पित करचें आनी देशाचे उज्ज्वल भविष्य घडेवपाक मजत करची अशें आवाहन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केलां., स्वच्छ भारत ही देशांतल्या सगळ्या कुटुंबांतल्या वांगड्यांची सामुहीक जापसालदारकी आसा आनी हे दिशेन लोकसहभागाचो दरेक यत्न खूब म्हत्वाचे आसात, सोशल मिडियाचे केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी म्हणला

**DRIVE 170**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या आवाहनाचेर आयज देशभरातले लोक मेगा नितळसाण मोहिमेंत वांटो घेतले. महात्मा गांधीच्या जयंतीच्या पूर्वसंध्येक तांकां श्रद्धांजली दिवपा खातीर आयज सकाळी 10 वरांचेर नितळसाण मोहिमेक एक वर श्रमदान करपाचें आवाहन प्रधानमंत्र्यानी नागरिकाक केलां. फाटल्या मन की बात कार्यावळीत प्रधानमंत्रनी स्वच्छता ही सेवा अभियानाचें म्हत्व अधोरेखित करून एक तारीख एक घंटा एक साथ हो उलो हो स्वच्छ भारता खातीर संवसारांतलो सगळ्यांत व्हडलो स्वयंसेवी यत्न जावंक शकता देखून लोकांक 1 ऑक्टोबराक मेगा नितळसाण मोहिमे खातीर वेळ काडपाचो उलो मारलो.

या मेगा नितळसाण मोहिमे खाला शार आनी गांवगिऱ्या भारतांतल्यान स लाख 40 हजारांवर सुवाती श्रमदान खातीर दत्तक घेतल्यात. बाजारपेठ, रेल्वेमार्ग, जलकुंभ, पर्यटन थळां, प्रार्थना सुवाती आनी हेर वाठार अशा भौशीक सुवातींनी नितळसाण कार्यावळींनी सगळ्या थरांतले नागरिक वांटो घेतले. तशेंच सुमार एक

लाख निवासी वाठारांनी श्रमदान खातीर रहिवासी कल्याणकारी स्वयंसेवक म्हणून काम

संघटना करपाक मुखार आयल्यात. पुराय राष्ट्रांत सुमार 35 हजार अंगणवाडी केंद्रे दत्तक घेवपा खातीर गावातले समुदाय मुखार आयल्यात. या खाशेल्या उपक्रमांत भारतीय लश्कर, नौदल, वायुसेनेचे कर्मचारी नागरीकां वांगडा हात मेळोवन वेगवेगळीं सुवाती निवळ करतले. नितळसाण स्थळांचेर नागरिकांक चित्रां क्लिक करून swachhatahiseva.com या पोर्टलाचेर अपलोड करू शकतात.

**110 desk**

फाल्या, १ ऑक्टोंबराक गोंयभर स्वच्छता निमतान नितळसाणीचे उपक्रम जातले. चंद्रगी पंदरशी पंचायत खात्यावरवीं दोन वरांची स्वच्छता पंदरस कार्यावळ जाता. हे निमतान आमदार-मंत्री पंचायतीक भेट दितले / आयज दरेकल्यान आपले सरभोंवतणी नितळसाणीक / 8 htt) •

(6) ऑक्टोबसक / १ वर दिवपाचो उलो / सरकारान मारला. / प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे वाढदिसा निमतान १७ सप्टेंबर ते २ ऑक्टोबर मेरेन / देशभर भाजपा आनी सरकाराच्या पांवड्यार वेगवेगळे लोकउपेगी आनी समाज कल्याणकारी उपक्रम हातांत घेतल्यात. स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमाक / येता त्या २ ऑक्टोबराक, / गांधी जयंती दिसा ४ वर्सां पुराय जातात. हे निमतान दरेक स्वयंपूर्ण मित्र आपल्या तांच्या-तांच्या पंचायतींक भेट 'दितलो / आनी चालीक लायिल्ल्या येवजण्यांचो नियाळ घेतलो/ सरकारान ग्रामीण मित्र तुमचे दारी,/ हो उपक्रम्य चालीक लायला/ १८ पारंपारीक वेवसायांतल्या विश्वकर्माखातीर पीएम विश्वकर्मा येवजणूय/ २ ऑक्टोबराक गोंयांत चालीक लागतली.

**Clean drive 60**

मेगा स्वच्छता मोहिमेखातीर आयज 7 लाखां परस चड कार्यावळी जावपाची शक्यताय आसा. आकाशवाणी न्यूजाक दिल्ले खाशेले मुलाखतीत गृहनिर्माण आनी शारी वेव्हार मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी सांगलें की, पंतप्रधानांच्या मेगा स्वच्छता मोहिमेच्या आवाहनाक वेगवेगळ्या मळार लोकांचो व्हड प्रतिसाद मेळटा. 4,800 परस चड शारी थळावी संस्था शंबर टक्के उक्त्याडर शौच मुक्त आसात अशे स्वच्छ भारत मिशनाच्या मार्गदर्शक तत्वां विशीं उलयतना मंत्री पुरी हांणी सांगलें

**Cleanliness 60**

नितळसाणे खातीर एक तारीख एक घंटा एक साथ एक साथ या उपक्रमाच्या आदारान गुजरातांतल्या सगळ्या जिल्ह्यांनी वेगवेगळे श्रमदान उपक्रम आयोजित केलयात केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह अहमदाबादांतल्या रानीप हांगा जावपी श्रमदानांत वांटो घेतलो जाल्यार मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल अहमदाबादांतल्या आपल्या विधानसभा मतदारसंघांतल्या घाटलोडिया हांगा नितळसाण मोहिमेत सामील जातले.

मंत्री, राज्य विधीमंडळाचे वांगडी हांचे सयत वेगवेगळे भौशीक प्रतिनिधी राज्यभरांतल्या वेगवेगळ्या सुवातींनी एक वर श्रमदान कार्यावळींनी वांटो घेतले.

**Modi sankalp 110**

प्रधानमंत्री मोदी हाणी नवी दिल्लीत सप्तकभर चलपी 'संकल्प सप्तक' कार्यावळ सुरू केल्या. भारतभरातल्या 329 जिल्ह्यांनी पातळिल्ल्या 500 आकांक्षी ब्लॉकांनी शासन सुधारप आनी जिणेचो दर्जो सुदारपाचो हेतू या कार्यावळीचो आसा. आकांक्षी ब्लॉक कार्यावळींतल्यान ब्लॉक पांवड्यार नागरिकांच्या जिणेचो दर्जो वाडोवपाचो यत्न जाता अशे या वेळार उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. तांणी सांगलें. आकांक्षी जिल्लो कार्यावळ एडीपीन पांच वर्सां पुराय केल्यांत आनी

हे सुशासनाचे उदाहरण आसा., स्वतंत्र भारताच्या पयल्या 10 कार्यावळींच्या खंयच्याय वळेरेंत एडीपी भांगराच्या अक्षरात आसतली अशे मोदी हांणी सांगलें

सुशासनाच्या मूलभूत गजालींचेर लक्ष केंद्रीत केल्यार आव्हानात्मक ध्येय लेगीत साध्य करूं येता हें कार्यावळींतल्यान दिसून आयलें अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी नदरेक हाडलें. आकांक्षी जिल्हयांच्या कार्यावळीचें यश हे आकांक्षी ब्लॉक कार्यावळीचो आदार जातलो हाचेर मोदी हांणी भर दिलो.

**Modi Telangana 85**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज तेलंगणाक भेट दिवन 13 हजार 500 कोटी रुपयां परस चड मोलाचे जायते उदरगत प्रकल्प राष्ट्राक समर्पित करतले आनी बुन्यादी फातर घालतले. नागपूर ते विजयवाडा इकॉनॉमिक कॉरिडॉरचो एक भाग आशिल्ल्या मुखेल रस्त्या प्रकल्पांची बुन्याद मोदी घालतले. तशेंच प्रधानमंत्री राष्ट्रीय महामार्ग 365 बीबीच्या सूर्यपेट ते खम्माम विभागा मदलो 59 किलोमीटर लांबीचो रस्तो राष्ट्राक समर्पित करतले.

प्रधानमंत्री मोदी जकलायर - कृष्णा नवीन रेल्वे मार्गाचे लोकार्पण करतले. हसन-चेरलापल्ली एलपीजी पायपलायन प्रकल्प ते राष्ट्राक समर्पित करतले. तशेंच भारत पेट्रोलियम कॉर्पोरेशन लिमिटेडच्या कृष्णपट्टणम ते हैदराबाद या बहु-उत्पादन पेट्रोलियम पाइपलाइनची पायाभरणीय ते घालतले.

**SHRIPAD 110**

भारताचे बंदर, जहाजबांधणी आनी उदकामार्ग आनी पर्यटन राज्यमंत्री श्रीपाद वाय. नाईक यांनी रियाध, सौदी अरेबियाच्या दौऱ्याला सुरुवात केली असून, भारत-सौदी संबंधातले एक महत्त्वाचो अध्याय आऊ या भेटी वेळार भारत-साउदी संबंदांचें बहुआयामी स्वरूप दाखोवपी कार्यावळींची माळ मंत्री वांटो घेतले.

मंत्री हांणी रियादांतल्या राष्ट्रीय संग्रहालयाक भेट दिली आनी भारत आनी साउदी अरेबिया हांचे मदल्या वारशाची सामायिक प्रशंसा अधोरेखित करून राज्याच्या समृद्ध इतिहासाचे वर्णन करपी आकर्षक कलाकृती आणि पावन 0 अवशेष अजापत जालें. तशेंच रियाधांतल्या भारतीय दूतावासांत भारतीय समाजाच्या मेळाव्या० ० उपयले

सौदी अरेबियाचे भारताचे राजदूत Dr. सुहेल अजाझ खान, दूतावासातीले टूर ऑपरेटर आणि पत्रकारांे मंत्र्यांनी चर्चा केली. ज्येष्ठ भारतीय समुदाय सदस्य, पत्रकार आणि छायाचित्रकार, के एन वासीफ यांनी त्यांनी लिहिलेले "इंडियाज आर्किटेक्चरल हेरिटेज" हे पुस्तक मंत्री यांना ' सादर केले. हीका

**RBI 80**

भारतीय रिझर्व्ह बँकेन नागरिकांक बँकेच्या शाखांनी 2 हजार रुपयांची नोटी जमा करपाची मुजत 7 ऑक्टोबर मेरेन वाडयल्या. 19 मे 2023 दिसा रिझर्व्ह बँकेन 2000 रुपयाच्या नोटी चलनांतल्यान काडपाची घोशणा केल्ली. हे खातीर नागरिकांनी बँकेच्या शाखांनी नोटी जमा करपाची मुजत 30 सप्टेंबर मेरेन जाहीर केल्ली. आयज ती वाडयल्या. 8 ऑक्टोबर सावन देशभरातल्या रिझर्व्ह बँकेच्या 19 कार्यालयांनी वचूनच ह्यो नोट बदलच्य पडटल्यो. आतापर्यंत चलनात आशिल्ल्या 2000 रुपयांच्या 2110019 ९६ टक्के नोटी परत केल्यात अशी म्हायती रिझर्व्ह बँकेन दिल्या. पूण 2000 रुपयाच्या नोटी वैध चलन स अशेंय बँकेन स्पश्ट केलां.

**ONLINE 35**

ऑनलायन गेमींग, सट्टेबाजी, कॅसिनो, घोड्यांची सर्त, आनी लॉटरी हांचेर आयज सावन 28 टक्के जीएसटी लागू जातली. फाटल्या ऑगस्टांत माल आनी सेवा कर मंळाचे 51वे बसकेंत हो निर्णय घेतला. ताची अधिसुचोवणी जारी जाल्या आनी आयज सावन ती चालीक लागतली.

**GAMES 70**

चीनांतल्या हांगझोऊ शारांत चालू आशिल्ल्या आशियाई खेळां सर्तीत भारतान आपली एकंदर पदकां 38 मेरेन पावयल्या, तातूंत 10 भांगरा, 14 रुप्या आनी 14 कांस्य पदकां मेळ्ळयांत. सध्या भारत पदकांच्या कोश्टकांत चवथ्या क्रमांकाचेर आसा.

आयज, भारतीय खेळगड्या खातीर म्हत्वाचो दीस आसतलो आनी भाग घेवपी खातीर जायती पदका मेळोवपाक झुजतले. तशेंच बायलांची हेप्टाथलॉन लांब उडी आनी 800 मीटर फायनल, दादल्यांची शॉट पुट, दादल्यांची 3000 मीटर एस सी, बायलांची डिस्कस, आनी बायलांची 1500 मीटर अंतिम फेरीय आयज जातली.

**Aditya 50**

भारताचें सौर मिशन आदित्य एलन धर्तरेसावन ९.२ किलोमीटर अंतराचेर वचून धर्तरेच्या प्रभावाच्या क्षेत्रांतल्यान यशस्वीरित्या सुटका केली आनी आतां धर्तरेसावन १५ लाख किमी. अंतराचेर आशिल्ल्या Lagrange पॉइंट 11 कडे आपलो म□र्ग म□यक्रोब्लॉगिंग स□इट व्रत□ एक्सचेर केल्ल्य□ पोस्टां□त अंतर□ळय□न आतं□ अश□ एक□ म□र्गा□र आस□ जे अंतर□ळ य□न□ सूर्य-पृथ्वी 11 बिंदू मेरेन व्हरतलें अशी म्ह□यती इसरोन दिल्य□

**KASHMIR 30**

काश्मीर देगणांत कुपवाडा पुलीस आनी लश्करान संयुक्त कारवाय करून काल कुपवाडा जिल्हयांतल्या माछिल सेक्टरांतल्या कुमकडी वाठारांत घुसखोरीचा प्रयत्न येसस्वीपणान उधळून लायलो. या जलद आनी समन्वयित कारवायेंत सुरक्षा दलांनी दोन दहशतवाद्यांक जीवेशी मारलें

**RAIN 110**

देशांतलो पावसाचो हंगाम सोंपला आनी अंदू जून ते सप्टेंबर मेरेन सामान्य पावस पडला. भारतीय हवामानशास्त्र विभाग आयएमडीन सांगलें की सकारात्मक

घटकांनी, एल निनो परिस्थितीच्या प्रभावाक प्रतिकार केलो. मान्सून हंगामात देशांत 94.4 टक्के पावस पडलो अशे आयएमडीन सांगल. गोयात आज मध्यम ते खूप व्हड प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय आसा आनी ताचे वांगडा 40-50 किमी. वेगान वारे व्हांवतले

चड करून ज्या भागात उदक साचण्याच्या अशा वचप टाळचें खवचचे पयलीं तुमच्या मार्गाचेर येरादारी कोंडी तपासात. असुरक्षित बांदावळींत रावप टाळचें, गडगडाच्या वेळार उक्त्या वाठारांनी आनी शेतांत काम करप टाळचें. गडगडाच्या वेळार, वीज आनी वाऱ्याच्या वेळार उंच झाडां खाला आलाशिरो घेवप टाळचें वीज खांबे आनी दुबळ्या बांदावळीं पासून पयस रावचें विद्‌युत उपकरणां वापरप टाळचें. अशे आयएमडीन सांगल

**MALDIV 45**

मालदीवान दुसरे आनी निमाणे फेरयेंच्या मतदानात सध्याचा मोहम्मद सोलीह हाका हारोवन मोहम्मद मुइज्जू यांची नवीन अध्यक्ष म्हणून निवड केली.

PPM-PNC च्या विरोधी युतीचे मुइझू हाका 54% मतां मेळ्ळीं जाल्यार MDP चे सध्याचे अध्यक्ष सोलीह हाका लागीं लागी सगळी 46% मतां मेळ्ळीं अशें वेंचणूक आयोगाच्या संकेतथळार म्हणलां.